राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 7 नोव्हेंबर 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दिवाळीच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या आनी देशभरातल्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी हो दिव्यांचो उत्सव आनी आमच्या देशातलो एक म्हत्वाचो सण आसा. हो सण व्हडा उत्साहान आनी उमेदीन, धर्म, जात-पात भेदभाव करीनासतना मनयतात. दिवाळीचो सण उजवाडान काळखाचेर, सद्‌गुणांनी वायटाचेर आनी ज्ञानान अज्ञानाचेर मेळयिल्ल्या अध्यात्मिक जैताचे प्रतिक आसा. दिवाळीच्या सणातल्यान मोग, शांतीकाय, समृध्दी आनी एकजूटीच्या संदेशाचो प्रसार जाता. हो शुभ उत्सव लोक दिवें आनी कंदील पेटोवन, घरांनी रोशणाय आनी सजावट करून, गोड पदार्थ आनी भेटवस्तूंचे दिवप-घेवप करून आनी लक्ष्मी देवीची पूजा करून मनयतात. हो सण आमकां आमच्या जीणेतल्यान नकारात्मकता पयस करून आमच्या काळजात दया, हावेस आनी सकारात्मकता रूजोवपाचो उगडास करून दिता.

दिव्यांच्या ह्या सोबीत उत्सवाच्या प्रसंगार हांव सगळ्यां कडेन मागता, की तांणी समाजातल्या वायट प्रवृत्तीचे निर्मुलन करून आमच्या देशांत शांतीकाय, समाजीक सलोखो, बरेंपण, सोशीकपण आनी समृध्दी खातीर स्वता पुर्नसमर्पित जावचें. ही मुल्यां दिवाळेचो खरो भावार्थ आनी चैतन्य आसा. ह्या प्रसंगार आमी समाजाच्या सगल्यां घटकांमदी मोग, आदर आनी एकजूट पातळावपाचो आनी शांतीकाय, सलोखो आनी भरभराटीचे राष्ट्र निर्माण करपा खातीर एकवटान काम करपाचो सोपूत घेवया, अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/722

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.